Panaji National 7th June 2025 6.30pm

PM Farmers - 75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीय शेतकऱ्यांच्या कल्याणाखातीर सरकारच्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केला. केंद्रांत एनडीए सरकाराचीं 11 वर्सां पुराय जाल्ल्याचो उल्लेख करून मोदी हांणी सांगलें, ह्या काळांत देशांतल्या कश्ट करपी शेतकारांची सेवा करप हि सरकाराक अभिमानाची गजाल. फाटल्या 11 वर्सां सावन सरकाराच्या वेगवेगळ्या उपक्रमांक लागून शेतकारांची समृध्दी वाडल्या आनी शेतकी क्षेत्रांत एकंदर परिवर्तन घडून आयला अशें प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें. मातयेची भलायकी आनी शिंपणावळ ह्या सारक्या मुद्द्याचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केलां आनी ताचो व्हड फायदो जाला अशें तांणी सांगलें.

Chauhan – 140

भारताक विकसीत देश करप हे  शेती सुदारप आनी शेतकारांक चड समृध्द करपाचेर अवलंबुन आसा अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. शास्त्रज्ञांचें आयकून आनी तांच्या सल्ल्याचो उपेग करून आपलें काम सुदारपाक  विकसीत कृशी संकल्प अभियानाचो चडांत चड फायदो घेवपाक तांणी शेतकारांक प्रोत्साहित केले. मध्य प्रदेशांतल्या सीहोर हांगा आयज कार्यावळींत ते उलयताले.

ह्या काऱ्यक्रमांत 51 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे उदरगत प्रकल्प सुरू जाले. तशेंच   चौहान हांणी मध्य प्रदेशांत प्रधानमंत्री आवास येवजण ग्रामीण 2018 (आवास प्लस यादी) हातूंत नोंद जाल्ल्या सगळ्या कुटुंबांक घरां बांदपाक मान्यताय दिल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  7,85,356

घरां बांदपाक मान्यताय दिल्या, सुमार 9,424 कोटी रुपया ह्या प्रकल्पाचेर खर्च करपाचे आसात अशें तांणी सांगलें. तशेंच अंदू मनरेगा खाला मध्य प्रदेशा खातीर 6,263 कोटी रुपयांचें कामगार बजेट मंत्र्यांनी जाहीर केलां. बायलांक सक्षम करपाच्या उद्देशान सरकार लखपती दीदी येवजनेचो वेगान विस्तार करता अशे तांणी सांगले.

Jaishankar – 85

भारत आनी ब्रिटन हांचे मदीं हालींच जाल्ली मुक्त वेपार करार आनी दोट्टी योगदान कबलात हो एक वाटचिरो आशिल्ल्याचे परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आज म्हळां. नवी दिल्लींत ब्रिटनचे परराश्ट्र मंत्री डेव्हिड लॅमी हांचे कडेनबरोबर जाल्ले बसकेंत तांणी सांगलें, हे कबलाती वरवीं दोनूय देशां मदल्या परस्पर वेपार आनी गुंतवणूकेक गती मेळटलीच पूण परस्पर संबंदांचेर आनी हेर म्हत्वाच्या पैलूचेरूय सकारात्मक परिणाम जातलो. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केल्ल्या खातीर आनी आतंकवादा आडच्या झुजात भारताक आदार दिल्ल्या खातीर डॉ जयशंकर हांणी ब्रिटन सरकाराचे उपकार मानले.

GOA-MINISTER PEMMASANI VISIT - 120

केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री डॉ. चंद्रशेखर पेम्मासानी हाणी आज गोंयचे येरादारी आनी पंचायती राज मंत्री मौवीन गोदीन्हो हांच्या बरोबर गोयांतल्या वेग वेगळ्या विकास स्थळांक भेट दिली आणि शाश्वत पायाभूत सुविधा आणि नागरिक-केंद्रित सेवांबद्दल राज्याच्या एकात्मिक दृष्टिकोनाचे कौतुक केले. तशेंच देशांतल्या पयल्या प्रकारच्या अत्याधुनीक ऑल इन वन सांडपाणी आनी कोयर प्रक्रिया

प्रकल्पाचेय डॉ.चंद्रशेखर हाणी निरीक्षण केले. डॉ.चंद्रसेखर, हांणी वीज, वायू, निवळ उदक, आनी रिसायकल केल्लीं सामग्री तयार करपा खातीर सुको, ओलो, आनी सैनिटरी कोयर वेवस्थापन करपाच्या मळार केल्ल्या नवनिर्माणा खातीर हे सुविधेची तोखणाय केली. आंध्र प्रदेशात अशा तरेचे मॉडेल आपणावपाक तांणी रुची दाखयली.

तशेंच डॉ.चंद्रसेखर हाणी उपजिल्हो हॉस्पिटल, जॉगर्स पार्क, आनी वाडेम तळ्याक भेट दिली आनी थंय तांणी निवळ, आधुनीक भलायकी सुविधा आनी नागरिकांक मेळपी पाचव्या भौशीक सुवातांची तोखणाय केली.

WORLD BANK-POVERTY RATE - 70

भारतान अत्यंत गरिबी उणी करपाक उल्लेखनीय प्रगती केल्या, 2011-12 ते 2022-23 ह्या काळांत 26.9 कोटी लोक तातूंतल्यान भायर सरले. संवसारीक बँकेच्या ताज्या आंकड्यां प्रमाण अत्यंत गरिबीचो दर 2011-12 वर्सा 27.1 टक्क्यांवयल्यान 2022-23 वर्सा लक्षणीयरीत्या कमी जावन फकत 5.3 टक्क्यांचेर आयला. हे दिकेन खासा प्रगती उत्तर प्रदेश, महाराष्ट्र, बिहार, अस्तंत बंगाल आनी मध्य प्रदेशांत नोंद जाल्ली. 2011-12 वर्सा अत्यंत गरिबींत रावपी वट्ट लोकांतले 65 टक्के लोक ह्या राज्यांनी आशिल्ले.

---

हालीच INS तारिणी वेल्यान पुराय जग भोवंडी करपी भारतीय नौदळाची दोन बायल लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आणि रूपा ए ही पयली भारतीय बायलो थारली. तांच्या ईतिहासिक यशाची यशोगाथा सांगपी आकाशवाणीच्या खबरा विभागाची खासा कार्यावळ तुमका आयकुक

मेळतली 105.4 मेगाहरडस एफ एम रेनबोचेर आज राती णव वरा 15 मिनटाचेर.